03.06.2025 8.40 am

मुखेल खबरो

1 संयुक्त राश्ट्रां सारक्या बहुपक्षीय मंचां सयत संवसारीक म्हत्वाच्या प्रस्नांचेर भारताच्या भूमिकेक सतत तेको दिल्ल्या खातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी पॅराग्वायची तोखणाय केल्या.

2 काल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी पॅराग्वायचे राष्ट्राध्यक्ष सांतिआगो पेना पॅलासिओस हांचे मदीं प्रतिनिधी मंडळ पांवड्यावेल्या उलोवणी वेळार भारत आनी पॅरागवे हांणी आपले संबंद आनीक घटमूट करपाचो निर्णय घेतला

3 नॅशनल बोर्ड ऑफ examinations in medical sciences NBEMS न NEET-PG 2025 परीक्षा फुडे धुकलल्या

4 भारतिय हवामान खात्यान आयज आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरात काय सुवातिनी घोग्यानी पावस पडपाचो अदमास काडला

5 आयपीएल 2025 सरतीत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी पंजाब किंग्स हांचे मदीं विजेते पदा खातीर आज सांजवेळा 7:30 वरांचेर खेळ जातलो

मुरमू 95

संयुक्त राश्ट्रां सारक्या बहुपक्षीय मंचां सयत संवसारीक म्हत्वाच्या प्रस्नांचेर भारताच्या भूमिकेक सतत तेको दिल्ल्या खातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी पॅराग्वायची तोखणाय केल्या. राष्ट्रपती भवनांत पॅराग्वायचे राष्ट्राध्यक्ष सांतिआगो पेना पॅलासिओस हांका येवकार दितना राष्ट्रपती मुर्मू हांणी भारत आनी पॅराग्वाय हांचे संबंद मोगाचे आनी इश्टागतीचे आसात अशें सांगलें. पहलगामांत जाल्ल्या भिराकुळ आतंकवादी हल्ल्या उपरांत आतंकवादाचो खर निशेध आनी एकचाराचो संदेश दिल्ल्या खातीर पॅराग्वे सरकाराचे ताणी उपकार मानले. हे बसके वेळार दोनूय फुडाऱ्यांनी हे संबंद आनीक घटमूट करपाची प्रचंड क्षमता आसा म्हण मान्य केलें. ही भेट संबंद घटमूट करपाक आनी संवादाक नवे वाठार उक्ते करपाक मदत करतली असो विस्वास तांणी उक्तायलो.

पॅराग्व 45

भारत आनी पॅरागवे हांणी स्वच्छ उर्जा, हरित हायड्रोजन आनी जैव इंधन ह्या मळार आपले संबंद आनीक घटमूट करपाचो निर्णय घेतला. काल नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी पॅराग्वायचे राष्ट्राध्यक्ष सांतिआगो पेना पॅलासिओस हांचे मदीं प्रतिनिधी मंडळ पांवड्यावेल्या उलोवणी वेळार हो निर्णय घेतला. पॅलासिओस भारताच्या तीन दिसांच्या भोंवडेर आयल्यात .

मोदी 100

अवकाश-विमान येरादारीत भारत संवसारीक फुडारी म्हूण उदेता हाचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उजवाड घालो . आंतरराष्ट्रीय हवाई येरादारी संघटनेच्या एक्यायशाव्या वर्सुकी सादारण बसकेत काल नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपम हांगा जाल्ल्या संवसारीक विमान येरादारी शिखर सभेच्या पूर्ण अधिवेशनांत उलोवप करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें की फाटल्या दशकांत नागरी येरादारी विमान क्षेत्रांत इतिहासीक प्रगती जाल्या, जी सर्वमान्य आसा. उडान येवजणेचें यश भारतीय नागरी विमान येरादारी क्षेत्रांतलो भांगराचो अध्याय आसा आनी भारत आतां संवसारांतलो तिसरो व्हड देशांतर्गत विमान येरादारी बाजार जालां अशें मोदी हांणी सांगलें. ह्या

वेळार उलयतना नागरी विमान येरादारी मंत्री के.राममोहन नायडू हांणी सांगलें,की फुडल्या पांच वर्सांत देशांत आनीक 50 विमानतळां विकसित करपा खातीर सरकार वचनबद्ध आसा.

NEET 60

नॅशनल बोर्ड ऑफ examinations in medical sciences (NBEMS) न NEET-PG 2025 परीक्षा फुडे धुकलला, जी या महिन्याच्या 15 तारखेक जावपाची आशिल्ली. सर्वोच्च न्यायालयाच्या आदेशाचे पालन करून, NBEMS आन NEET-PG 2025 एकाच शिफ्टीत घेवपाचो निर्णय घेतला. अधिक परीक्षा केंद्रां आणि आवश्यक मुळाव्या सुविधांची व्यवस्था करपाक ही परीक्षा फुडे धुकलल्या अशे बोर्डान म्हणला. NEET-PG आयोजित करपाची सुधारित तारीख रोखडीच सूचित करतले अशे तांणी सांगले.

कोरिया 25

अल्पकालीन पूण धक्कादायक लश्करी कायदो लादल्या उपरांत सत्तेवयल्यान काडून उडयल्ल्या रूढीवादी युन सुक येओल हांच्या जाग्यार नवो राष्ट्राध्यक्ष वेंचपाक दक्षिण कोरियेत मतदान सुरू आसा. फाल्यां जैतीवंत, राष्ट्राध्यक्षपदाचो सोपूत घेतले

जितेंद्र 150

केंद्रीय मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हाणी नवी दिल्लीत भारतजेन शिखर परिषदेत भारतीय भाषां खातीर स्वदेशी विकसित सरकारच्या निधीतल्यान AI आधारित भारतातले पयले स्वदेशी विकसित मल्टीमॉडल large language model (LLM) -लाँच केले. भारतजेनचे उद्दिष्ट भारतातल्या भाषिक आणि सांस्कृतिक क्षेत्रात एआय विकासात क्रांती घडोवन हाडप आसा. या उपक्रमाक विज्ञान आणि तंत्रज्ञान विभाग (DST) चे फाटबळ आसा आणि ते आघाडीच्या शैक्षणिक संस्था, तज्ञ आणि नवीन सदस्यांचो एक मजबूत पंगड एकठाय हाडटा. शिखर परिषदेत उलयताना, डॉ. सिंह हाणी भारतजेनचे वर्णन नैतिक, समावेशक, बहुभाषिक आणि भारतीय मूल्या आणि नीतिमत्तेत खोलायेन रुजलेले एआय तयार करपाचे राष्ट्रीय ध्येय म्हणून केले. ही माची मजकूर, भाषण आणि प्रतिमा पद्धती एकठाय करता, २२ भारतीय भाषांमदी अखंड एआय उपाय दिना. हो उपक्रम भलायकी सेवा, शिक्षण, शेती आणि प्रशासन यासारख्या महत्त्वाच्या क्षेत्रांक सक्षम करतलो, प्रत्येक भारतीयाक समजून घेतलो आणि त्यांची सेवा करतलो अशे प्रदेश-विशिष्ट एआय उपाय प्रदान करतलो. प्रादेशिक भाषांमदी उलोवपी एआय डॉक्टरांनी दुर्गम गावांनी टेलिमेडिसिनात क्रांती घडोवन हाडल्या अशे तांणी म्हळे

गोयल 110

भारत आनी अमेरिकेंत व्यवसायांक प्राधान्यान बाजारपेठ उपलब्ध करून देवपाची इच्छा बाळगीतात अशें वाणिज्य मंत्री पीयूष गोयल हाणी सांगलां. पॅरिसांत पत्रकारां कडेन उलयतना तांणी सांगलें, की प्रस्तावीत द्विपक्षीय वेपार कबलातीचेर दोनूय देश एकठांय येवन वावुरतात. अमेरिकेचे अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी तिख्या आनी ॲल्युमिनियमाचेर दर दुपेटीन 50 टक्क्यां मेरेन वाडोवपाची घोशणा केल्या हाचेर विचारतकच गोयल हाणी सांगलें,की हे सगळे प्रस्न द्विपक्षीय रितीन सोडोवपाक दोनूय देश एकठांय येवन वावुरतले. वेपार आनी गुंतवणूक वाडोवपा खातीर

फ्रेंच फुडारी आनी वेवसायीक प्रतिनिधीं कडेन उलोवणी करपा खातीर गोयल पॅरिसाच्या अधिकृत भेटीचेर आसात. फेब्रुवारींत अमेरिकेचे अध्यक्ष ट्रम्प आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी परस्पर फायद्याच्या, बहुक्षेत्रीय द्विपक्षीय वेपार कबलात (बीटीए)च्या  पयल्या टप्प्याचेर वा सप्टेंबर-ऑक्टोबर 2025 मेरेन वाटाघाटी करपाची येवजण जाहीर केल्ली.

टॅक्सी 80

गोंयांतल्या खाजगी टॅक्सी चालकांनी गोंय सरकारान टॅक्सी एग्रीगेटर ॲप सुरू करपाचे येवजणेक विरोध केला. ह्या टॅक्सी चालकांच्या म्हणण्या प्रमाण ॲपा वरवीं सेवा सुरू केल्यार ताचो टॅक्सी वेवसायाचेर वायट परिणाम जातलो आनी थळाव्या टॅक्सी चालकांच्या उदरनिर्वाहाक धोको निर्माण जातलो. गोंयांतल्या कांय टॅक्सी चालकांनी कॅब एग्रीगेटर ॲपाच्या मसुद्याच्या प्रस्तावा संबंदी लेखी हरकती आनी सुचोवण्यो सादर केल्यात. काल पणजेत टॅक्सी चालकांचो पंगड जमून आपलो हुस्को उक्तायलो. उत्तर गोंय जिल्लो दंडाधिकाऱ्यान कलम 144 लागू केल्ल्यान टॅक्सी चालकांनी शिस्तबद्ध पद्दतीन संबंदीत खात्या कडेन आपली हरकत सादर केली.

हवामान 95

भारतिय हवामान खात्यान आयज आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरात काय सुवातिनी घोग्यानी पावस पडपाचो अदमास काडला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण आयज अरुणाचल प्रदेश, उदेंत राजस्थान, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय, पंजाब आनी उत्तराखंडात  काय सुवातिनी घोग्यानी पावस पडपाची शक्यताय आसा. जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, गिलगित-बाल्तिस्तान-मुझफ्फराबाद, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ़ आनी दिल्ली हांगाय आयज काय सुवातिनी गडगड, वीज आनी वादळी वारें हांचे वांगडा हलको ते मध्यम प्रमाणात पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. फुडल्या दोन दिसां खातीर ओडिशा, गंगेटिक अस्तंत बंगाल, दर्यादेग आंध्र प्रदेश, यानम, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा.

स्पोर्ट्स 65

इंडियन प्रिमियर लीग (आयपीएल) 2025 सरतीत अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांर रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी पंजाब किंग्स हांचे मदीं विजेते पदा खातीर आज सांजवेळा 7:30 वरांचेर खेळ जातलो. चंडीगढांत जाल्ल्या पयल्या क्वालिफायरांत रजत पाटीदराच्या फुडारपणा खाला आरसीबीन आपल्या प्रतिस्पर्ध्यांचेर आघाडी घेतल्या, कारण चंडीगढांत जाल्ले पयले क्वालिफायरांत आठ विकेटींनी हारोवन फायनलींत थेट प्रवेश मेळयला. पूण दुसऱ्या क्वालिफायरांत मुंबय इंडियन्स आड जाल्ल्या परंभवातल्यान पंजाबाक परत खेळपाची संद मेळ्ळी.

कबड्डी 90

प्रो कबड्डी लीग (पीकेएल) च्या इतिहासांतलो सगळयांत यशस्वी खेळगडो प्रदीप नरवाल हाणें पीकेएल 12 खेळगड्याच्या लिलावा वेळार विक्री जावूक नाशिल्ल्यान खेळांतल्यान निवृत्ती घेतिल्ल्याची घोशणा केल्या. 28 वर्सां पिरायेच्या ह्या तरणाट्यान खेळां प्रसारका वांगडा लायव्ह सत्रांत ही घोषणा केली.

आनी आता खबरो सोपोवच्या पयली ह्यो आसात काय मुखेल खबरो

1 संयुक्त राश्ट्रां सारक्या बहुपक्षीय मंचां सयत संवसारीक म्हत्वाच्या प्रस्नांचेर भारताच्या भूमिकेक सतत तेको दिल्ल्या खातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी पॅराग्वायची तोखणाय केल्या.

2 काल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी पॅराग्वायचे राष्ट्राध्यक्ष सांतिआगो पेना पॅलासिओस हांचे मदीं प्रतिनिधी मंडळ पांवड्यावेल्या उलोवणी वेळार भारत आनी पॅरागवे हांणी आपले संबंद आनीक घटमूट करपाचो निर्णय घेतला

3 नॅशनल बोर्ड ऑफ examinations in medical sciences NBEMS न NEET-PG 2025 परीक्षा फुडे धुकलल्या

4 भारतिय हवामान खात्यान आयज आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरात काय सुवातिनी घोग्यानी पावस पडपाचो अदमास काडला

5 आयपीएल 2025 सरतीत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी पंजाब किंग्स हांचे मदीं विजेते पदा खातीर आज सांजवेळा 7:30 वरांचेर खेळ जातलो